Panaji National

15th December 2025 8.40am

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन देशांच्या भोंवडेर वतात.

बिहारचे मंत्री नितीन नबीन हांची भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष म्हणून नेमणूक जाल्या.

रेल्वे पुराय ब्रॉड गेज नेटवर्कांचें विद्युत्करण पुराय करपाचे वाटेर आसा.

आर्जेन्टिनाचो फुटबॉल खेळगडो लिओनेल मेसी आयज आपल्या GOAT इंडिया टूरच्या चवथ्या आनी निमाण्या पावडयात नवी दिल्लीत पावतलो.

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं धर्मशाळात जाल्ल्या पांच मॅचींच्या माळेंतल्या तिसऱ्या टी-20 खेळांत भारतान दक्षिण आफ्रिकेक सात विकेटींनी हारयलो.

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन देशांच्या भोंवडेर वतात. आपल्या भेटीच्या पयल्या पांवड्यात मोदी किंग अब्दुल्लाह द्वितीय इब्न अल हुसैन हांच्या आमंत्रणाचेर जॉर्डनाक वतले. प्रधानमंत्री मोदी जॉर्डनच्या राजा बरोबर द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय पैलूंचो नियाळ घेतले आनी प्रादेशिक मुद्याचेर विचारांचो आदान-प्रदान करतले.
प्रधानमंत्री 16 डिसेंबराक इथिओपियाक वतले. मोदी हांची ही इथिओपियाची पयली भेट. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री इथिओपियाच्या प्रधानमंत्र्यांक मेळटले. भारत-इथिओपिया द्विपक्षीय संबंदांच्या सगळ्या पैलू विशीं हे भेटी वेळार व्यापक चर्चा जावपाची शक्यताय आसा.

प्रधानमंत्री आपल्या भेटीच्या निमाण्या पांवड्यात ओमानाक वतले. ते ओमानचे सुलतान हैथम बिन तारिक हांची भेट घेतले. वेपार, गुंतवणूक, उर्जा, संरक्षण, सुरक्षा, तंत्रगिन्यान, शेती, संस्कृताय ह्या सारक्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय भागीदारीचो पुराय नियाळ हे भेटींत जातलो अशी अपेक्षा आसा.

BJP Nabin

भाजपा संसदीय मंडळान पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी नितीन नबीन हांची पक्षाचे राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या. संघटनात्मक फुडारी म्हणून वळख आशिल्ले नबीन सध्या पाटणा जिल्हयांतल्या बांकीपूर विधानसभा मतदारसंघांतले आमदार आसात. नीतीश कुमार हांच्या  फुडारपणा खालच्या बिहार सरकारांत ते रस्ते बांदकाम मंत्री आसात. नबीन हे भारतीय जनता पक्षाचे म्हालगडे फुडारी आनी आदले आमदार सर्गेस्त नबीन किशोर प्रसाद सिन्हा हांचे पूत. 45 वर्सां पिरायेचे  नबीन हे पक्षाच्या इतिहासांतले  सगळ्यांत तरणाटे कार्यकारी अध्यक्ष. हया पदाचेर नेमणूक जाल्लो तो बिहारांतलो पयलो भाजपा फुडारी.   प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी हांणी नितीन नबीन हांका राष्ट्रीय कार्यकारी अध्यक्ष जाल्ल्या खातीर परबीं दिल्यात.

हाचे आदीं अर्थ राज्यमंत्री आनी उत्तर प्रदेशांतल्या महाराजगंजांतले सात फावटीं खासदार आशिल्ले पंकज चौधरी उत्तर प्रदेश भारतीय जनता पक्षाचे अध्यक्ष म्हणून वेंचून आयले.

Prez

काल उर्जा संवर्धन दीस. हया निमतान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी नवी दिल्लींत राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन पुरस्कार (NECA ) 2025 आनी उर्जा संवर्धनाचेर राष्ट्रीय चित्रकला सर्त 2025च्या विजेत्यांचो भोवमान केलो. उर्जा संवर्धन आतां फकत पर्याय न्हय, तर सध्याच्या काळाची गरज आसा अशें कार्यावळींत उलयतना राष्ट्रपतींनी सांगलें. उर्जा संवर्धन आनी निवळ उर्जा संक्रमणाच्या मळार भारतान म्हत्वाचीं पावलां उबारल्यांत अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें.

Railway

रेल्वे पुराय ब्रॉड गेज नेटवर्कांचें विद्युत्करण पुराय करपाचे वाटेर आसा, आनी 25 राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांत 99 टक्क्यांवयर विद्युतीकरण जालां. रेल्वे मंत्रालयान 2019 ते 2025 हया काळांत 33 हजार किलोमीटरां परस चड मार्गांचे विद्युतीकरण जाल्ल्याची म्हायती दिल्या. हया काळांत जाल्ले एकूण विद्युतीकरण जर्मनीच्या पुराय रेल्वे जाळ्या इतलेंच आसा आनी हाजे वेल्यान

नितळ आनी कार्यक्षम रेल्वे ट्रॅक्शनच्या विस्तारात देशाची व्यापक क्षमता दिसून येता अशें मंत्रालयान मुखार सांगले.

INS Goa

भारतीय नौदल 17 डिसेंबर 2025क गोंयच्या आयएनएस हंसा हांगा नौदलाचे मुखेल एडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हांच्या उपस्थितींत, आपलें दुसरें MH-60R helicopter squadron, INAS 335 (Ospreys) कमिशन करतली. ह्या स्क्वाड्रनाच्या आस्पावाक लागून भारतीय नौदलाची अभिन्न विमानन क्षमता वाडटली. प्रगत शस्त्रां, सेन्सर्स आनी एव्हियोनिक्स प्रणालींनी सज्ज आशिल्लें हें हेलिकॉप्टर भारतीय नौदला खातीर एक बहुमुखी आनी सक्षम संसाधन थारता, जे परंपरीक तशेंच असममित धोक्यांक तोंड दिवपाखातीर वाढीव क्षमता प्रदान करता.

FPI

ह्या म्हयन्याच्या पयल्या दोन सप्तकांत परकी गुंतवणूकदारांनी भारतीय शेअर बाजारांतल्यान 17,955 कोटी रुपया काडल्यात.नोव्हेंबरांत तांणी 3,765 कोटी रुपया काडिल्ले. हाचे आदीं ऑक्टोबरांत परकी गुंतवणूकदारांनी शेअर बाजारांत 14,610 कोटी रुपयांची गुंतवणूक केल्ली. सप्टेंबरांत तांणी 23,885 कोटी रुपया, ऑगस्टांत 34,990 कोटी रुपया आनी जुलयांत 17,700 कोटी रुपया काडील्ले.

Messi Delhi

आर्जेन्टिनाचो फुटबॉल खेळगडो लिओनेल मेसी आयज आपल्या GOAT इंडिया टूरच्या चवथ्या आनी निमाण्या पावडयात नवी दिल्लीत पावतलो. मुखेल कार्यावळ अरुण जेटली स्टेडियमांत जातली. दिल्ली भेटी वेळार मेसी तीन युवा ट्रॉफी जिखपी मिनर्वा अकादमी पंगडाचो भोवमान करतलो. तशेंच ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण णव खेळगड्यांची सेलिब्रिटी फुटबॉल सर्तय जातली. लिओनेल मेस्सीचो GOAT इंडिया टूर ह्या म्हयन्याचे 13 तारखेक कोलकातात सुरू जालो.

Messi

नामनेचो फुटबॉल खेळगडो लिओनेल मेस्सीन कोलकातात स्टेडियमांतल्यान भायर सरल्या उपरांत जाल्ल्या गोंधळ आनी जाळपोळीची चवकशी निवृत्त

न्यायाधीश असीम कुमार रॉय हांच्या फुडारपणा खालची चवकशी समिती करता. समिती वांगड्यांनी काल सॉल्ट लेकांतल्या युवा भारती क्रीडांगणाक भेट दिली. चवकशी अजून प्राथमीक पांवड्यार आसा अशें, निवृत्त न्यायाधीश असीम कुमार रॉय हांणी सांगलें.

मजगतीं, मेस्सीच्या कार्यावळीचो आयोजक सताद्रु दत्ताक काल 14 दिसांच्या पुलीस कोठडीत दवरला. हे घडणुके संबंदी पुलिसांनी दोन गुन्यांव नोंद केल्यात. राज्यपाल सी.व्ही. आनंद बोस हांणीय काल स्टेडियमाक भेट दिली.

Maharashtra

मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्या फुडारपणा खाला महाराष्ट्र सरकारान काल मुंबयंत राज्य पांवड्यावेल्या खेळां उपक्रम "प्रकल्प महादेव"चें उक्तावण केलें. "प्रकल्प महादेव" महाराष्ट्र इन्स्टिट्यूशन फॉर ट्रान्सफॉर्मेशन व्हिलेज, सोशल ट्रान्सफॉर्मेशन फावंडेशन, वेस्टर्न इंडिया फुटबॉल असोसिएशन, सिडको, आनी महाराष्ट्र सरकाराच्या खेळां खात्याच्या भागीदारीत राबयतले.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आज तेलंगणा आनी अंतर्गत कर्नाटकात कुडकुडयाचे शि पडपाचो अदमास उक्तायला. आज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, अरुणाचल प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, नागालँड, त्रिपुरा आनी पंजाबत कांय वाठारांनी दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां. तशेंच आज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर काय सुवातींनी गडगड आनी जोगला मारपा संयत नेटान वारे मारून पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हवामान एजन्सीच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन दिसांत वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान ल्हव ल्हव दोन अंश सेल्सियस देंवतलें.

Squash

स्क्वॉशात, भारतान चेन्नईत अव्वल मानांकित हांग्कांगाचेर जैत मेळोवन पयलें स्क्वाश विश्वचषक जिंकले. यजमान भारतान काल सांजवेळार जाल्ल्या निमाण्या खेळांत हांग्कांगचेर 3- o अशी मात केली. जोशना चिनाप्पान का यी लीक हारोवन, अभय सिंगान क्वान लाऊक हारयलो आनी अनाहत सिंगान हो तोमेतो जे-लॉक हाका हारयलो आनी भारताक जैत मेळोवन दिले.

Cricket
दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल रातीं धर्मशाळात हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमाचेर जाल्ल्या पांच मॅचींच्या माळेंतल्या तिसऱ्या टी-20 खेळांत भारतान दक्षिण आफ्रिकेक सात विकेटींनी हारयलो. दक्षिण आफ्रिकेन दिलल्या 118 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना भारतान 15.5 ओव्हरींनी ३ बाद 120 धांवड्यो केल्यो. अभिषेक शर्मान सगळ्यांत चड 35 धांवड्यो केल्यो जाल्यार तिलक वर्मा 25 धांवड्यचेर नाबाद उरलो.
ताचे आदीं भारतान कुरुबावलो जिखून पयली गोलंदाजी करपाचें निवडलें. पयली फलंदाजी करपी दक्षिण आफ्रिका निर्धारित 20 ओव्हरींनी 117 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो. कर्णधार एडन मार्करामान सगळ्यांत चड 61 धांवड्यो केल्यो. भारता खातीर आर्षदीप सिंग, हर्षित राणा, वरुण चक्रवर्ती आनी कुलदीप यादव हांणी दरेकीं 2 विकेटी घेतल्यो.
ह्या जैताक लागून भारतान पांच मॅचींचे माळेंत 2-1 अशी आघाडी घेतल्या.हे माळेतली चवथी मॅच बुधवारा लखनौ शारांत जातली, आनी निमाणी मॅच शुक्रारा अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर जातली.